**आकाशवाणी पणजी**

**प्रादेशिक खबरा**

**26.06.2025** **@ 7.20 pm**

**1 गोंयात दिव्यांग व्यक्तीखातीर आयोजित जावपी आंतरराश्टीय पर्पल फेस्ट महोत्सव अंदु 9 ते 12 ओक्टोबर ह्या काळात जातलो.**

**2 बंदखणींतलो काळ याद करताना तांणी म्हणले की थेट छळ नासलो तरी राजकी कैद्यांक हेर गुन्यांवकारा वांगडा दवरताले असो उगडास भारतांत लादिल्ल्या आणीबाणीच्या काळांतले आपले वैयक्तीक अणभव सांगताना केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हाणी काडले**

**3 शिक्षण संचालनालयान मुख्यमंत्री-वशिष्ठ गुरु राज्य शिक्षक पुरस्काराखातीर अर्ज मागयल्यात**

**4 खेलो इंडिया युनिव्हर्सिटी गेम्स 2025 अंदू नोव्हेंबरांत जातली.**

गोंयात दिव्यांग व्यक्तीखातीर आयोजित जावपी आंतरराश्टीय पर्पल फेस्ट महोत्सव अंदु 9 ते 12 ओक्टोबर ह्या काळात जातलो. महोत्सवाचे आयोजन universal design, inclusive thinking ह्या संकल्पनेचेर संयुक्त राश्ट्रसंघ आनी केंद्रिय सामाजिक न्याय मंत्रालयाच्या जोडपालवान केला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या. Byte

ह्या महोत्सवा वेळार दिव्यांग व्यक्तीखातीर वेगवेगळ्या मळावेली मारर्गदर्शन सत्रां, तशेंच रोजगाराच्या संदी विंशी म्हायती दिवपाची सत्रा जातली.ह्या महोत्सवाखातीर नावनोंदणी आयच्यान सुरु जाला. महोत्सवात संबंधित मळावेली सरकारी अधिकाऱ्या सयत,देशी तशेंच विदेशी दिव्यांग व्यक्तीखातीर काम करपी बिगर सरकारी संघटना वाटेकार जातले.दिव्यांग व्यक्तीखातीर लागपी वेगवेगळ्या सुविधेच्या नदतरेतल्यान चर्चा जांवन ह्या महोत्सवात संशोदनात्मक पेपर तयार करुन ते सरकाराक फुडारात दिव्यांग व्यक्तीखातीर धोरणा तयार करपाक महोत्सवातले तज्ञ मानेस्त दितले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिली.

केरळचे राज्यपाल राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकार हाणी 25 जून 1975 क भारतांत लादिल्ल्या आणीबाणीच्या काळांतले आपले वैयक्तीक अणभव सांगले.त्या काळाचो उल्लेख करून तांणी हो काळ व्यापक गोंदळ आनी धक्कादायक आशीलो जेन्ना पुराय देश बेसुदशा स्थितींत आशिल्लो अशें वर्णन केलें. "खरें म्हणल्यार कितें घडटा तें कोणाकूच खबर नाशील्लि . आणीबाणी अचकीत आयली आनी आमीय तयार

नाशिल्ले. त्याच राती देशभरांतल्या वेगवेगळ्या पक्षांतल्या जायत्या फुडाऱ्यांक जातून - आरएसएस, जनसंघ आनी समाजवादी पक्ष आसपावतात ताका अटक जाली. तत्कालीन प्रधानमंत्री इंदिरा गांधीक विरोध करपी कोणाकूय बंदखणींत उडयले," अशें आर्लेकरान याद काडली. बंदखणींतलो काळ याद करताना तांणी म्हणले की थेट छळ नासलो तरी राजकी कैद्यांक हेर गुन्यांवकारा वांगडा दवरताले आनी तांकां निकृष्ट जेवण, कपडे आनी गादी दिताले उणी हवा पंखे ना आनी आमी जमनीर न्हिदताले .

"इंदिराजीन फकत आपली सुवात सुरक्षीत करपा खातीर आणीबाणी लागू केली. ही हुकूमशायाची कृती आशिल्ली. तरणाट्या पिळगेन हो इतिहास याद दवरचो पडटलो आनी लोकशायेक गृहीत धरप नासता हे समजून घेवचें पडटलें. जागृताय सगळ्यांत चड म्हत्वाची" अशें तांणी स्पश्ट सांगले

सांगेंच्या उपनगराध्यक्ष पदार आदले मंत्री पांडू वासु नायक हांचे पूत संगमेश्वर नायक हांची आयज बिन विरोध निवड जाली. ह्या वेळार निर्वाचन अधिकारी म्हणून सांगेचे उपजिल्लोधिकारी मिलिंद्र वेळीप हांणी काम पळयलें. आदले उपनगराध्यक्ष सय्यद इकबाल हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान ती सुवात रिती जाल्ली. ती भरुन काडपाक आयज वेंचणूक आसली. संगमेश्वर नायक हांचो एकूच अर्ज आयिल्ल्यान ताची बिन विरोध निवड घोशीत केली. सांगें नगरपालिका सभाघरांत आपयिल्ले हे बसकेत धा नगरसेवकांमदले चार नगरसेवक सोडल्यार, नगराध्यक्ष संतिक्षा गडकार, सय्यद इकबाल, प्रिती नायक, अर्चना गांवकार आनी स्वेता नायक तारी हजर आशिल्लीं.

ह्या वेळार उपनगराध्यक्ष संगमेश्वर नायक हांणी आपली निवड केल्ले खातीर सगल्या नगरसेवकांचे उपकार मानतना, मंत्री सुभाष फळदेसाय हांच्या सहकार्यान उरिल्लीं कामा करतलों. तशेंच उदरगतीच्या कामांत भर दितना सगल्या नगरसेवकांक विस्वासांत घेवनूच मुखार वतलों अशें ताणी सांगलें.

सावंत हाणी International DayAgainst Drug abuse and illicit trafficking ही घुंवळी वखदा आड घडोवन हाडील्या मोहीमे निमित्त दिवचल पोलिस स्टेशनचे समर्पित अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांनी आयोजित केल्या ड्रग्ज जागरूकता बाईक रॅलीक पाचवो बावटो दाखयलो या रॅलीत ड्रग्जच्या धोक्या आड जागरूकता निर्माण करपाक आणि समुदायाचो संकल्प घटमुट करपाक उत्साही सहभाग दिसून आयलो

शिक्षण संचालनालयान मुख्यमंत्री-वशिष्ठ गुरु राज्य शिक्षक पुरस्काराखातीर अर्ज मागयल्यात. मुळाव्या पावड्यावेल्यान उच्च माध्यमिक पांवड्यामेरेन १० शिक्षकांक हे वर्सुकी पुरस्कार फावो जातात. पात्र शिक्षकांनी २४ जून ते ३१ जुलै २०२५ मेरेन अर्ज भरून सादर करपाक जाय. दर वर्सा राज्य शिक्षक पुरस्कारा खातीर शिक्षकांनी स्वता नामांकना सादर करची पडटा. ह्या नामांकनातल्यान १० पात्र शिक्षकांची निवड जाता. ह्या पुरस्कारांचे अर्ज तालुको भाग शिक्षणाधिकारी कार्यालयांनी तशेच शिक्षण संचालनालयाच्या पोर्टलाचेर उपलब्ध आसात. अर्ज पुराय भरून पणजी, म्हापसा वा मडगांवच्या जिल्हो शिक्षण केंद्रांनी सादर करचे पडटले अशे शिक्षण खात्यान कळयलां. पोरूच्यान ह्या पुरस्काराचे नांव बदलिल्ल्यान आता 'मुख्यमंत्री- वशिष्ठ गुरु पुरस्कार' ह्या नांवान राज्य शिक्षक पुरस्कार भटेयतले.www.education.goa.gov.in ह्या पोर्टलाचेरुय मुख्यमंत्री- वशिष्ठ गुरु पुरस्कार राज्य शिक्षक पुरस्काराखातीरचे अर्ज उपलब्ध आसात

प्रसार भारती वेस्ट झोनांत आकाशवाणी आनी दूरदर्शन केंद्रां खातीर टेक्निकल इंटर्न्स भरती करता. ६६ सुवातो आसात आनी एक वरसाचो कंत्राटी पद्धतीन कामाक 25000 रुपया म्हयन्याक मेलटलो इलेक्ट्रॉनिक्स, IT, सिव्हिल, टेलिकम्युनिकेशन आदी शाखेंतल्यान ६५% गुणांनी BE/ME केलेले नवे पदवीधर हे खातीर अर्ज करू शकतात.

मडगावचया रवीनद्र भवनावतीन दर सपत्तकाक वेगवेगळयो कार्यावळी घडोवन हाडटात. तयो वेगवेगळया विशयाक ओंपिलल्यो आसतात. शुक्रार २७ जूनाक अशीच एक कार्यावळ घडोवन हाडल्या तातूंत वेवसायान दोतोर आशिलले कवी वांटेकर जावपाचे आसात. 'कावयानंद डॉकटर सपेशल' अशे नांव आशिलले हे कार्यावळीचे यजमानपण डॉ. अनुजा जोशी करतली तातूंत डॉ. शामा सिंगबाळ, डॉ. अमन प्रभूगावकार, डॉ. आंतोनियो रॉड्रीगीस, डॉ. वेंकटेश हेगडे, डॉ. आरती दिनकर आनी डॉ. नूतन देव आपलयो कविता सादर करतली. कार्यावळीचे निवेदन डॉ. कादंबरी कुलकर्णी करतली. ही कार्यावळ मडगांवचया रवीनद्र भवनात सांजवेळा साडे स वरांचेर जातली.

आदिवासी कल्याण संचालनालयान २०२५-२६ या वर्षाखातीर केंद्र पुरस्कृत योजनेक म्हणजेच इयत्ता नववी आणि धावीच्या अनुसूचित जमातीच्या विद्यार्थ्यां खातीर मॅट्रिकपूर्व आणि मॅट्रिकोत्तर शिष्यवृत्ती खातीर राष्ट्रीय शिष्यवृत्ती पोर्टलचेर ऑनलाइन अर्ज मागयल्यात. आदिवासी कल्याण संचालनालयान हे योजने खातीर राष्ट्रीय शिष्यवृत्ती पोर्टलर शिष्यवृत्तीक नोंदणी/अर्ज करपाची निमणी तारीख जाहीर केल्या. नवीन वा नूतनीकरणा खातीर १० जून ते ३१ ऑक्टोबर २०२५ पर्यंत नोंदणी/अर्ज

करण्याची प्रक्रिया आसा संस्थेवरवी पडताळणी पूराय करपाक ३० नोव्हेंबर २०२५ मेरेन आसा तर जिल्हा/राज्यांक पडताळणी पूराय करपाक ३१ डिसेंबर २०२५ मेरेन आसा.

गोवाशिपयार्ड लिमिटेडान स्वदेशी डिझाइन केल्या आणि बांदील्या ८ जलद गस्ती जहाजांपैकी पयले I C G S अदम्य जहाज आज इंडियन कोस्ट गार्डकडे सुपूर्द केले. जीएसएलच्या जहाजबांधणी कुशळतायेचो पुरावो म्हणून, हे आत्मनिर्भर भारत आणि मेक इन इंडियाचे एक धाडसी पावल आसा

खेलो इंडिया युनिव्हर्सिटी गेम्स 2025 अंदू नोव्हेंबरांत राजस्थानांतल्या जयपूर शारांत जातली. युवा वेव्हार आनीखेळां मंत्री डॉ मनसुख मांडाविया हांणी काल ही घोशणा केली.

काल बर्लिनांत चालू आशिल्ल्या 4 नेशन्स चॅम्पियनशिपांत भारतीय कनिश्ट

दादल्यांच्या हॉकी पंगडान तिसऱ्या क्रमांकाच्या प्लेऑफांत ऑस्ट्रेलियेचेर 2आड 1 अशी हार घाली.

**पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.5डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 82% नोंद जाला. वारे वराक 30 ते 40किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता नुसते मारानी मुखावेल्या स्पतकात खोल दर्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला**